THE GOAN
गोंयकार वार्ता भांगरभूंय

# 'साहित्यांत परिवेशाची भुमिका' खांडोळ्यां परिसंवाद रंगलो

**पणजी** : साहित्य अकादेमीन सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, खांडोळेंच्या हिंदी विभागाच्या सहकार्यान 6 फेब्रुवारीक महाविद्यालयाच्या आवारांत आयोजीत केल्ल्या 'साहित्यांत परिवेशाची भुमिका' ह्या एका दिसाच्या राष्ट्रीय परिसंवादांत नामनेचे लेखक गोविंद मिश्रा हांणी साहित्यांतल्या परिवेशाचें म्हत्व सांगलें. गोविंद मिश्रा हांणी वेगळवेगळ्या युगांतल्या आनी काळांतल्या प्रभावा प्रमाण भाशेच्या वापरांत जावपी बदलां विशीं सांगलें.

अॅड. उदय भेंब्रे हांणी कोंकणी भाशेचो उदय, कोंकणींतलें साहित्य आनी कोंकणी साहित्यांत परिवेशाची भुमिका हाचेर भर दिलो. गोंयांत भास म्हणून कोंकणी पुनरुज्जीवनाचो संघर्श आनी कोंकणी साहित्यांत गोंयकारांचो इतिहास आनी संस्कृताय कशी निर्माण जाली हाचेर तांणी उजवाड घालो.

कोविडाच्या काळांत जेन्ना मनीस एकसुरो पडलो तेन्ना आपली भावना उक्तावपा खातीर साहित्य ताचो आदार जालो अशें प्राचार्य प्रा. पूर्णकला सामंत हांणी सांगलें. हिंदी विभाग मुखेली डॉ. आशा गहलोत हांणी लेखक, साहित्य आनी युग हें समजून घेवपा खातीर 'साहित्यांत परिवेशाची भुमिका' ह्या विशयाचेर राष्ट्रीय परिसंवाद घडोवन हाडिल्ले खातीर साहित्य अकादेमीचे उपकार मानले.

पयलें सत्र 'सृजनशीलताय आनी संदर्भ' ह्या विशयाचेर आशिल्लें. प्राध्यापक वृशाली मांद्रेकार हांणी ह्या सत्राचें अध्यक्षपद भुशयलें. जितेंद्र भाटिया, डॉ. बृजपाल सिंग गहलोत आनी मनिषा गावडे हांणी ह्या सत्रांत आपले प्रबंध सादर केले. 'कथा साहित्यांत संदर्भांची भुमिका' ह्या विशयाचेर दुसरें सत्र जालें. ह्या सत्राचे नामदेव ताराचंदनी अध्यक्ष आसले. जयशंकर, डॉ. अमृता डिंगे आनी डॉ. सपना पेलपकर हांणी आपले प्रबंध सादर केले. तिसरें सत्र 'कवितेंत संदर्भांची भुमिका' ह्या विशयाचेर आशिल्लें. अजय सिंग चौहान हांणी ह्या सत्राचीं सुत्रां संबाळ्ळीं. डॉ. आशा गहलोत, ममता वेर्लेकार आनी स्नेहा प्रभु म्हांबरे हांणी प्रबंध सादर केले.

साहित्यांत संदर्भ, काळ, युग हांचें कितलें म्हत्व आसा हाचेर थंय हाजीर आशिल्ल्यांनी आपलीं मतां उक्तायलीं. उक्तावण सत्राचें सुत्रसंचालन सहाय्यक प्राध्यापक दीपाली सुतार हांणी केलें. उपप्राचार्य आनी हिंदी विभाग मुखेली डॉ. आशा गहलोत हांणी उपकार मानले.

पयल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या सत्राचें सुत्रसंचालन वळेरेन सहाय्यक प्राध्यापक सची नायक, प्रियंका नायक आनी मनिषा मळीक हांणी केलें आनी उपकाराचें उलोवप दर्शना परांजपे, साईशा फडते गांवकार आनी रिती सिंग हांणी केलें.



'साहित्यांत परिवेशाची भुमिका ह्या विशयाचेर खांडोळें म्हाविद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय परिसंवादांत हाजीर आशिल्ले नामनेचे लेखक गोविंद मिश्रा, अॅड. उदय भेंब्रे आनी हेर मानेस्त.